राष्ट्रीय खबरो

१९.०६.२०२५ @ ६.३० pm

Bharat Croatia 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांचे क्रोएशियन समपदस्थ आंद्रेज प्लेनकोविच हांणी झाग्रेबांत प्रतिनिधी मंडळा पातळेचेर उलोवणी केली. भारत आणि क्रोएशियान दीर्घकाळापासून प्रलंबित आशिल्या भारत-ईयू मुक्त व्यापार कबलातीचेर चर्चा केली.

क्रोएशियांत योगाची व्हड प्रमाणांत लोकप्रियता नोंद करून थळाव्याच्या उमेदीची कौतुक केले . 21 जून दिसा आंतरराष्ट्रीय योग दिसा निमतान तांणी सांगलें की फाटल्या वर्सा प्रमाण क्रोएशियाचे लोक हो दीस व्हड उमेदीन मनयतले असो विस्वास आसा.

Shah 45

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सांगला की, भारताचे भाषिक दायज परत मेळोवपाची आणि मातृभाषांचेर अभिमानान जगाचे फुडारपण करपाची वेळ आयल्या. नवी दिल्लीन पुस्तक प्रकाशन सुवाळयात उलयताना शाह हाणी म्हणले की, देशाच्यो भाषा ह्यो त्याच्या संस्कृतीचे रत्न आसात. परदेशी भाषा भारतीय संस्कृती आणि इतिहासाचे सार आत्मसात करूक शकना.

Adivasi 100

देशभरातल्या आदिवासी समुदायांच्या जीणेत परिवर्तनात्मक बदल घडोवन हाडपाक सरकार काम करता . आकाशवाणी न्यूजाक दिल्या खासा मुलाखतीत, आदिवासी व्यवहार मंत्री जुआल ओराम हाणी म्हणले की, त्यांच्या मंत्रालयान फाटल्या ११ वर्षात आदिवासी समुदाय फाटी उरु नये याखातीर वेगवेगळयो योजना आणि कार्यक्रम राबयल्यात अशाच एका योजनेचो - एकलव्य मॉडेल निवासी शाळा - उल्लेख करत त्यांनी सांगले की या उपक्रमाचो विद्यार्थ्यांक व्हड प्रमाणात फायदो जाता. 'विकसित भारत का अमृत काल: सेवा, सुशासन, गरीब कल्याण के ११ साल' या खासा मालिकेचो भाग म्हणून, ही खासा मुलाखत आज राती ९.३० क

१००.१ आकाशवाणी एफएम गोल्ड वाहिनी आणि आकाशवाणीच्या पुराय नेटवर्कचेर प्रसारित करतले. ही मुलाखत आमच्या NEWSONAIROFFICIAL YouTube चॅनेलर एकाच वेळार प्रसारित करतले

Iran 85

इराणातल्या भारतीय नागरिकांक सुरक्षितपणान परत हाडपाक सरकार सर्वतोपरी प्रयत्न करता आणि भारतीय मिशनच्या सदस्यांक घेवुन वचपी आनीक एक विमान आज पावपाची अपेक्षा आसा. ताचेआदी, उत्तर इराणातल्यान भायर काडील्ले ११० भारतीय विद्यार्थी नवी दिल्ली पावले. नवी दिल्लीत माध्यमांकडे उलयताना परराष्ट्र राज्यमंत्री कीर्ती वर्धन सिंह हाणी म्हणले की, इराणातल्या भारतीय नागरिकांक भायर काडपाक सरकाराक ३५० परस चड विनवण्यो मेळल्यात. आडकील्या लोकांक परत हाडपाक आज एक विमान तुर्कमेनिस्तानाक वता . नवी दिल्ली उड्डाणांखातीर सुरक्षित आणि खुल्या हवाई क्षेत्रा चो वापर करता आणि सुरक्षित मार्गांनी भायर काढपाचे प्रयत्न करतात, हाचेर मंत्र्यांनी भर दिला

Cricket 40

लीड्सांत इंग्लंडा आड जावपी पयले कसोटी खातीर दादल्यांच्या निवड समितीन हर्षीत राणाचो आस्पाव भारतीय पंगडांत केल्ल्याची म्हायती भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान केल्या. शुबमन गिलाच्या फुडारपणा खाला हो पंगड शुक्रारा लीड्सांतल्या हेडिंगली हांगा सुरू जावपी इंग्लंडा आड पांच मॅचींची कसोटी मालिका खेळपाक तयार आसा.

IMD 90

मेघालय, गंगीय पश्चिम बंगाल, झारखंड आनी ओडिशा हांगा आयज काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय हवामान खात्यान

दीला. बिहार, छत्तीसगढ, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, कोंकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी ईशान्य राज्यांनीय फुडल्या 2-3 दिसांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनीय आयज गडगडपाची शक्यताय आसा असो अदमास आयएमडीन दीला. मजगतीं, काल सांजवेळा दिल्ली-एनसीआरत पावस

पडून उमाशेच्या खर उश्णतेंतल्यान थाकाय मेळ्ळी. राष्ट्रीय राजधानी

आनी लागसारच्या एनसीआर वाठारांत शेनवारा मेरेन हलको ते मध्यम

पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या पांच दिसां खातीर ह्या वाठारांत मध्यम पावस आनी गडगडाटी वादळाची शिटकावणी आयएमडीन दिल्या.